# भूंयजल स्त्रोतांच्या शाश्वततायेचेर प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे आयोजन

ता. 26 जून 2023

केंद्रीय भूंयजल मंडळ, बंगळुरू आनी उदकास्त्रोत संचालनालय, गोंय सरकार हांच्या जोड पालवान "भूंयजल स्त्रोतांची शाश्वतता" ह्या विशयाचेर आयोजीत तीन दिसांच्या प्रशिक्षण कार्यक्रमांक आयज सिंचाई भवन, पर्वरी हांगा सुरवात जाली.

उदकास्त्रोत संचालनालयाचे सचीव श्री. सुभाष चंद्रा हे प्रशिक्षण कार्यक्रमाच्या उक्तावण सत्राक मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित आशिल्लें. कार्यक्रमात उलयताना तांणी येणाऱ्या काळांत जमनी पोंदच्या उदकाक चड म्हत्त्व येतले अशें सांगून मनीस कल्याणाच्या सर्वांगीण उदरगतीत भूजल स्रोतांच्या शाश्वततायेची भूमिका म्हत्त्वाची आसतली, अशें सांगलें.

उदका पुरवण आनी नितळसाण विभागाचे मुखेल अभियंता-I श्री. संतोष म्हापे हांणी भूंयजल शाश्वतता आनी स्त्रोतांच्या विकासाच्या नियोजना खातीर उदका पुरवण विभागाकडेन संबंधित आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांची कार्यक्षमता वाडपाची गरज उक्तायली.

उदकास्त्रोत संचालनालयाचे मुख्य अभियंता श्री. प्रमोद बदामी हांणी आपल्या उलोवपात भूंयजल क्षेत्रात काम करपी राज्य आनी केंद्र सरकारच्या विभागांमदी सहकार्य आनी समन्वय आसपाची गरज उक्तायली.

केंद्रीय भूंयजल मंडळाचे विभागीय संचालक श्री. एन. ज्योती हांणी प्रशिक्षण कार्यक्रमाची म्हायती दिली.

प्रशिक्षण कार्यक्रमात उदकास्त्रोत आनी भौशीक बांदकाम खात्याचे अभियंते, तांत्रिक सहाय्यक, सर्वेक्षक आनी गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे अधिकारी सहभागी जाल्यात.

उक्तावण कार्यक्रमा उपरांत भूंयजल स्त्रोतांच्या शाश्वततायेच्या विविध विशयांचेर तांत्रिक सत्रां जाली. प्रशिक्षण कार्यक्रमाच्या दुसऱ्या दिसा अधिकारी पिळर्ण हांगाच्या युनिचेम लॅबोरेटरीच्या पावसा उदक साठोवपाच्या प्रकल्पाक भेट दितले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/516

--

------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.